Panaji regional news 03.08.2025, 7.20pm

## व्हडली अर्थवेवस्था

भारत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचे वाटेर आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. देखून भारतान आपल्या अर्थीक हितसंबंदा विशीं जागृत उरपाक जाय. उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत काल सुमार 2200 कोटी रुपयांच्या उदरगतीच्या कामांचो बुन्याद घालून आनी उक्तावण करून ते मेळाव्यांक संबोधीत करताले. सध्या संवसारीक अर्थवेवस्थेक जायत्यो अनिश्चितताय आनी अस्थिरतायेचें वातावरण आसा अशें श्री मोदी हांणी उक्तायलें. अशे परिस्थितींत संवसारभरांतलीं राश्ट्रां आपल्या हिताचेर लक्ष केंद्रीत करतात.नागरिकांकय कांय जापसालदारक्यो आसतात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. सगळयांनी स्वदेशी खातीर प्रतिज्ञा घेवची असो उलो तांणी मारला. ताणें स्वदेशीची व्याख्या भारतीयाच्या घामान आनी यत्नांनी तयार केल्ली खंयचीय वस्तू अशी केली, राष्ट्राक “व्होकल फॉर लोकल” हो मंत्र आपणावपाचो उलो मारलो. “मेक इन इंडिया” उत्पादांचो प्रचार करपाचें उतर दिवचें अशें प्रधानमंत्री हांणी नागरिकांक उलो मारला. आमच्या घरांत भितर सरपी दरेक नवी वस्तू स्वदेशी आसूंक जाय, आनी ही जापसालदारकी दरेका भारतीयान आपणावपाक जाय अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. दरेका वेपाऱ्याक आनी दुकानदाराक फकत स्वदेशी उत्पादनां विकपाची प्रतिज्ञा करची अशें आवाहन प्रधानमंत्र्यान केलें आनी ही राष्ट्राची खरी सेवा आसतली अशें पुष्टी केलें. येवपी महोत्सवाच्या हंगामांत लोकांनी स्वदेशी उत्पादनांचो वापर करचो असो उलो तांणी मारलो आनी ही महात्मा गांधीक खरी श्रद्धांजली जातली अशें सांगलें.

“आयुर्वेद आहरा

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान आयुष मंत्रालयाच्या सल्ल्यान “आयुर्वेद आहरा” ह्या वर्गा खाला आयुर्वेदीक अन्न तयार करपाची एक निश्चीत वळेरी जाहीर केल्या. हें म्हत्वाचें पावल भारताची काळान मान मेळिल्ली अन्न बुद्धी मुखेल प्रवाहांत हाडटा, 2022 वर्सा अन्न सुरक्षीतताय आनी मानक (आयुर्वेद आहारा) नियमन सुरू जाले उपरांत.ह्या नेमांक लागून अधिकृत आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान पाककृती, घटक आनी प्रक्रिया हांचेर आदारीत खाणां-जेवणांक मान्यताय मेळ्ळया आनी नवी वळेरी गिरायकांक आनी वेवसायांक अपूर्व स्पश्टताय आनी आत्मविस्वास हाडटा सारकेंच.नेमाच्या अनुसुची ब च्या टिप (1) खाला जारी केल्ली ही वळेरी अनुसुची अ त दिल्ल्या शास्त्रीय आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान थेट घेतल्या, जाका लागून ह्या अन्न सुत्रांची प्रामाणीकता आनी पारंपारीक आदार सुनिश्चीत जाता. आयुर्वेद आहारा उत्पाद तयार करपा खातीर स्पश्ट आनी विस्वासांत घेवपा सारको संदर्भ दिवन अन्न वेवसाय संचालकांक मजत करपाचो हे उपक्रम आसा.आयुष मंत्रालयाचे राज्य मंत्री (आयसी) आनी भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाचे राज्य मंत्री श्री प्रताप्राव जाधव हांणी नागरिकांनी आयुर्वेद आहाराचो दीर्घकाळ भलायकेचे फायदे अणभवपा खातीर तांच्या दिसपट्ट्या जिणेंत आस्पाव करचो असो उलो मारला. वेळान चांचणी केल्लीं ह्यो आहार पद्दती फकत कुडीक पोशण दितात अशें न्हय तर रोगप्रतिकार शक्त घटमूट करतात, पचनक्रियाक आदार दितात आनी एकंदर बरेपणाक चालना दितात अशें तांणी भर दिलो.भौशीक भलायकी बऱ्या परिणामां खातीर आयुर्वेद आदारीत पोशण व्यापकपणान आपणावपाक प्रोत्साहन दितनाच उद्देगीक भागधारकां खातीर नियामक स्पश्टताय वाडोवपाक हो उपक्रम एक म्हत्वाचो खीण थारता.

## रोटरी क्लब

दिवचल रोटरी क्लब काम करीत आसा आनि हेच भावनेन त्यांचे योगदान समाजातल्या तळगातल्या लोकांमेरेन पावले आसा. हेर समाजसेवी संस्थांनी रोटरी क्लबाचो आदर्श नजरेसमोर दवरुन समाजकार्य करचे असो उलो दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री विजयकुमार नाटेकर हाणीं मारला.दिवचल रोटरी क्लब हाणीं दिवचल वाटारातल्या गरजू अशा 25 लोकांक आर्थिक पालक दितना रेनकोट वाटप केले .हे वेळार नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर ,सुधीन नाईक आनि अभिजीत तेली हे मानेस्त हजर आशिल्ले.

## पत्रकार मित्र पुरस्कार

संघेम - क्षेपेमपत्रकार संघान लोकमान्य तिलक पुण्यतिथीच्या निमतान आपलो 42वो वर्धापन दीस मनयलो.सर्वोदय हायस्कुल हॉल, कर्चोरेम हांगा ही कार्यावळ घडोवन हाडली.समाज कल्याण मंत्री श्री. @ एस_फाल_देसाई,विधायक,श्री. @nileshcabral &...हेर मानेस्तांनी ह्या संदर्भाक सोबीतकाय दिली.सांगेम – क्षेपेम पत्रकार संघान सहाय्यक म्हायती अधिकारी, डीआयपी, श्री. कार्यक्रमांत पत्रकार मित्र पुरस्कार दिवन श्याम गांवकार.

## ‘कलारंग फोंडा’

गोंयांतल्या नामनेच्या ‘कलारंग फोंडा’ ह्या फामाद सांस्कृतीक गटाचो नवो लोगो हालींच केळबाय कुर्टी हांगा जाल्ल्या कार्यावळींत उक्तावण जालो.ह्या कार्‍यक्रमाक मुखेल सोयरो, घुमट तज्ञ आनी कलेचें दायज सांबाळपी कलाकार, सूरज पिंगे , मानेस्त म्हूण जनशक्ति कल्याण संघटनेचो अध्यक्ष विशांत गावडे, गीतेश इम्फालकार (संगीत शिक्षक), कलारंग फोंडा गटाचो अध्यक्ष, महेश

सतकर, उपाध्यक्ष मिनेश गावडे, हाजिर अशिल्ले. दीवली पेटोवन कार्यावळीची सुरवात जाली. ह्या लोगोचें अनावरण नामनेचो घुमट तज्ञ सूरज पिंगे हांणी केलो. तानी आपल्या उलोवपांत सांस्कृतीक चळवळीच्या म्हत्वाचेर भर दिलो आनी म्हणलें, "हो नवो लोगो फकत पंगडाची वळख न्हय, तर मुल्यांचें आनी सांस्कृतीक नदरेक प्रतिकात्मक प्रतिनिधीत्वय." जावन आसा.हो लोगो गोंयचो नामनेचो कलाकार प्रसन्न काकटकार हानी तयार केला आनी ह्या लोगोचेर समाई नाच, कुंणबी नाच, घोड्याचेर बसपाची प्रतिकात्मक नदर वर्तुळाच्या आकारांत दाखयल्या. तातूंत आधुनिकता आनी परंपरेचो सोबीत मेळ दिसून येता. अशे संगले. श्रेया कोलेकार हांणी कार्यावळीचें सूत्रसंचालन केलें, जाल्यार रंजिता गावडे हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.

## केरी - फोंडेंचो सप्ताह

केरी - फोंडेंचो वर्सुकी अखंड भजनी सप्ताह ओंदू १४ आनी १५ ऑगस्ट असो दोन दीस जातलो अशी म्हायती आयोजन समितीन दिल्या. केरी गांवची ग्रामदेवी श्री सातेरी देवीच्या या भजनी सप्तकाक बरीच पोन्नी परंपरा आसा. आमरखणे , आमाडी, आर्ले , दायगोडे , वांगाळ , नाळळे आनी करमळें अशा मुखेल सात वाड्यांचो केरी गांव सैमिक विविधतायेन नटला. या गांवातले भक्ती परंपरेक लेगीत तितलेंच म्हत्व आसा. पारंपारीक भजनी पंगडा वांगडाच धनश्री गाडगीळ फडके, ओंकार च्यारी ह्या नामनेच्या कलाकारांच्यो गायनाच्यो मैफिली जातलो अशें केरी फोंडा सप्ताह उत्सव समितीन कळीत केलां.

## सांखळेच्या रवींद्र भवनात

सांखळेच्या रवींद्र भवनात मोहम्मद रफी आणि किशोर कुमार हांका आर्गां ओपपी तुम बिन जाऊ कहा ही संगीताची कार्यावळ आयोजित केल्या .हे कार्यावळीत गोंय आणि महाराष्ट्रातले नामनेचे गायक कलाकार भाग घेतले. हातुंत शामल सामंत, राजेश मडगावकर ,अन्नपूर्णा साखरदांडे आणि मोहम्मद

शफी हांचो आसपाव आसा. हे कार्यावळीक  संगीत मोगीनी वडा संकेन हजर रावचे असो उलो रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष श्री दत्तराम चीमुलकर हाणीं मारला.

सत्तरी पत्रकार

सर्गेस्त  सदानंद तेंडुलकर यादस्तिक समाज मित्र पुरस्कार पर्यावरण प्रेमी सूर्यकांत गावकर हांका भेटोवपात आयलो .सत्तरी पत्रकार संघान आयोजित केल्ल्या एक खास कार्यवाळईत सूर्यकांत गावकर हांका हो पुरस्कार भेटयलो. मुखेल सोयरे या नात्यान समाज कार्यकर्ता विनोद शिंदे, भिरोंडा ग्रामपंचायतचे सरपंच उदयसिंग राणे ,सत्तरी पत्रकार संघाचे उदय सावंत आनि हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.